**ग्रामपंचायत वार्ड पोटवेंचणूक वार्डातली सोरो विक्री आस्थापनां बंद दवरपाचो आदेश, सोरो येरादारीचेर निर्बंध**

ता. 8 मे 2025

बार्देस म्हालांतल्या थिवी ग्रामपंचायतीचो वार्ड-1 आनी अस्नोडा ग्रामपंचायतीचो वार्ड-7 खातीर 11 मे 2025 दिसा पोटवेंचणूक जावपाची आसून मतदान दीस आनी मतमेजणीच्या फांटभुंयेर पोटवेंचणूक जावपी वार्डांतलीं सगळीं सोरो विक्री आस्थापनां, दुकांना, बारां ता. 10, 11 आनी 12 मे 2025 दिसा बंद दवरपाचो आदेश दिला. बार आनी रेस्टोरंट परवानो आशिल्ल्या आस्थापनांक फकत खावपाचे जिन्नस विकपाक मेळटले आनी तशीं सुचोवणी दिवपी बोर्ड लावचे पडटले. बार काऊंटर बांद दवरचो पडटलो आनी वयल्या दिसांनी सोरो विकपाक मेळचो ना.

तशेंच वयल्या दिसांनी पोटवेंचणूक जावपाची आशिल्ल्या वार्डांनी खंयचीय व्यक्ती आपल्या कुटुंबातल्या वांगड्या सयत बियर सोडून भारतीय बनावटीच्या विदेशी सोऱ्याची वा विदेशी सोऱ्याची पाऊण बाटली आनी 650 एमएलच्यो स बियरीच्यो बाटल्यो आनी देशी सोऱ्याची पाऊण बाटली एका जाग्यावयल्यान दुसऱ्या जाग्यार व्हरपाक शकतली वा आपल्या लागी बाळगुपाक शकतली.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/465

--
---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.